# सुचयल्ले उपक्रम

## सप्तक पयलें

**विशय - पर्यावरण / सैम**

1. शाळेच्या परिसराचे भोंवतणे कडल्यान लागसारचे बागेंत / कुळागर / बागायत / उद्या / शेत / रान आदी भितर सैम भोंवडी. विद्यार्थ्यांक वेगवेगळ्यो वनस्पती / झोपां / रोपां / पिकां आदींचें निरिक्षण करपाक आनी तांच्यांत तांचे विशीं एकामेका कडेन स्वताचे भाशेंत उलोवंक प्रोत्साहन दितले.
2. विद्यार्थ्यांक पुराय शाळेच्या परिसरांत फेरी मारपाक सांगून, थंय आशिल्ल्यो वनस्पती आनी मोनजाती वळखुपाक आनी तांचीं नांवां वेगवेगळ्या भाशांनी सोदून काडूंक बरोवंक सांगतले. तेच प्रमाण तांणी लेबलिंग लेगीत करूं येता. हो उपक्रम चित्रां दाखोवनय करूं येता.
3. शाळेंत येतना वा खंयीय वतना विद्यार्थ्यांक हांगा थंय पडिल्लीं पानां उखलपाक सांगूं येता, तांकां आल्बम तयार करपाक सांगूं येता आनी शिक्षक, पालक आनी वनस्पती तज्ञां कडल्यान ह्या पानांचीं नांवां वेगवेगळ्या भाशांनी जाणून घेवपाक सांगूं येता.
4. विद्यार्थ्यांक वेगवेगळ्या कार्यावळीं खातीर सांकेतीक भाशेचो वापर करपाकय प्रेरीत करूं येता. वखदी वनस्पतींची वळख करून घेवप आनी ह्या वनस्पतींच्या गुणधर्मा विशींचे संवाद वेगवेगळ्या भाशांनी वांटून घेवं येतात. शाळेच्या वाठारांत ह्यो वनस्पतीं मेळ्ळ्यो जाल्यार ह्या वनस्पतींचें लेबलिंग वेगवेगळ्या भाशांनीय करूं येता.
5. एका कथाकथनकारांक / समाजीक व्यक्तीक / पालकाक शाळेंत आफोवन, त्या वाठाराची विशिश्ट उतरावळ वापरून त्या वाठारांतल्या वेगवेगळ्या रुतू विशीं, पर्यावरणीय प्रस्नां विशीं एक काणी सांगूंक लावं येता.
6. शाळेंत चलतल्या भारतीय भाशांनी प्रस्नमाची घडोवन हाडप.
7. वेगवेगळ्या वन्यजीव संवर्धन प्रकल्पां विशींचे व्हिडियो वेगवेगळ्या भाशांनी उपलब्ध आसात, ते विद्यार्थ्यांक दाखोवं येतात. विद्यार्थ्यांक ते व्हिडियो / डॉक्युमेंटरी अनवळखी भाशेंत दाखोवन तांकां आशयाचो अदमास करपाक सांगल्यार तें तोखणायेचें जातलें.
8. विद्यार्थ्यांक कंपोस्ट करप, कोयर उणो करप अशा वेगवेगळ्या पर्यावरण अनुकूल कार्यावळींनी वांटो घेवंक दिवं येता जंय जाणकार वेगवेगळ्या भाशांनी प्रक्रिया करून दाखयतले.
9. थळावे पर्यावरण वेवस्थेचें वर्णन वळखीच्या आनी अनवळखी भाशांनी बुलेट बोर्डांचेर सादर करप.

## सप्तक दुसरें

**साहित्य**

1. वळखीच्या भाशांनी कथा सांगची आनी ताचे उपरांत हेर खंयचेय भाशेंतल्यान सांगची. कोड-मिक्सिंग आनी कोड स्वीचिंगाक चालना दिवची.

2. लेखक भेटी: राज्य भाशेंत बरोवपी थळाव्या लेखकांक विद्यार्थ्यां कडेन संवाद सादपाक आफोवप. तांणी आपले अणभव सांगूं येतात, आपल्या पुस्तकांतले उतारे वाचून दाखोवं येतात आनी प्रस्न आनी जाप सत्रांनी वांटो घेवं येता.
3. वळखीचीं आनी अनवळखी उतरां/वाक्यां वेगवेगळ्या भाशांनी बरोवप.
4. वेगवेगळ्या भाशांनी कविता वाचन करप.
5. विद्यार्थ्यांक वेगवेगळ्या भाशांतल्यान कथांचें नाट्य रुपांतर करपाक सांगप.
6. राज्याच्या साहित्य दायजा कडेन संबंदीत थळावीं वाचनालयां, संग्रहालयां वा इतिहासीक थळांनी भोंवडी घडोवन हाडप. विद्यार्थ्यांक आपलो अणभव बरोवपाक सांगप.
7. वेगवेगळ्या भाशांनी भावना आनी विचार उकतावप.
8. ए.आय.सी.टी.ई. विकसीत केल्ली **अनुवादिनी**: ध्वनी आनी दस्तावेज ए.आय. अनुवादक उपरण (https://anuvadini.aicte-india.org) वापरून पत्रां/कथा बरोवप आनी तांचो वेगवेगळ्या भाशांनी अणकार करप.
9. सहपाठी, शिक्षक, इश्ट आनी शेजाऱ्यां कडेन वेगवेगळ्या भाशांतल्या पुस्तकांचें आदान-प्रदान.
10. शब्द अंताक्षरी - एका विद्यार्थ्याक ताचे भोंवतणच्या वाठारांतलें खंयचेंय एक उतर वळखीचे भाशेंत सांगपाक लावप आनी हेर विद्यार्थ्यांनी तें उतर विंगड विंगड भाशांनी सांगप.
11. राज्य भाशेंतली लोकप्रिय कथा/कविता/नाटक वेंचून शिक्षकान आवाज मॉड्युलेशन आनी अभिव्यक्ती सयत व्हडल्यान वाचूं येता. एकाच काणयेचो/कवितेचो/नाटकाचो अणकार वेगवेगळ्या भाशांनी वाचचो. शक्य जाल्यार अनवळखी भारतीय भाशेची लिपीय बी अणकारा वांगडाच विद्यार्थ्यां मदीं वांटूं येता.

## सप्तक तिसरें

### जेवणखाण

1. बाजारपेठ स्थापन करूं येता आनी मसाल्याचे पदार्थ तांच्या नांवां सयतवेगवेगळ्या भारतीय भाशांनी प्रदर्शीत करूं येता.

- मसाल्याच्या पदार्थांचीं चित्रांय वापरूं येतात.
- नांवां 3-4 भारतीय भाशांनी आसूं येतात.
- वरिश्ठ विद्यार्थ्यांक मसाल्याचीं शास्त्रीय नांवांय सांगूं येतात.
- हेच भशेन आदले कार्यावळींत सांगिल्ले प्रमाण दाळी, कड्डणां, भरड धान्यां आदींची बाजारपेठ स्थापन करूं येता.

2. शिक्षकान विद्यार्थ्यांक वेगवेगळ्या राज्यांतल्या खाणां-जेवणांचें प्रदर्शन करूक / तांचे विशीं उलोवंक सांगूं येता.
3. भारतांतल्या रांदचे कुडींनी वेगवेगळीं आयदनां वापरतात आनी तांचो आकार, जाचे पसून तीं तयार जाल्यात ती वस्तू आनी तांचो उपेग वाठारा प्रमाण बदलता. शिक्षकान विद्यार्थ्यांक हें समजावन सांगूं येता.

4. वेगवेगळ्या भारतीय रांदचे कुडींनी रांदपाचें वेगवेगळें तंत्र वापरतात. भाजप, बेक करप, वाफावप, तळप आनी हेर वेगवेगळे प्रकार आसतात. विद्यार्थ्यांक ह्या रांदपाच्या तंत्रांचेर उण्यांत उणें 2-3 वेगवेगळ्या भाशांनी चर्चा करपाक सांगचें.
5. वेगवेगळ्या राज्यांचो अभिन्न वांटो आशिल्ल्या गिरेस्त संस्कृतीक दायजाच्योय जेवण रांदप, वाडप आनी जेवप हांचे कडेन संबंदीत कांय विचित्र चालीरिती आसात. अशे तरेच्या कांय चालीरितींक फकत उत्सवांत वा हेर खाशेल्या प्रसंगांनी पाळो दितात. शिक्षक ह्या विशिश्ट चालीरितींचेर चर्चा सुरू करतलो. विद्यार्थ्यांक गटांनी विभागतले आनी उपरांत ही चाल ज्या राज्याची आसा त्या विशिश्ट राज्याचे भाशेंतल्यान ह्या चालीरितीं विशीं विद्यार्थी उलयतले.
6. जिणे पद्दतींत बदल जाल्ल्यान जेवणां संबंदीत शब्दसंग्रहांत जावपी बदलां विशीं विद्यार्थ्यांक तांचो आजो-आजी आनी शेजारच्या जेश्ठ नागरिकांचीं मतां जाणून घेवपाक सांगूं येता.

## सप्तक चवथें

**आपली भोंवतण समजून घेवप**

**आंतरविद्याशाखी उपक्रम**

1. विद्यार्थ्यांक तांच्या वाठाराच्यो वेगवेगळ्यो म्हत्वाच्यो सुवाती/ इमारती वळखुपाक सांगूं येता आनी समाजांतल्या लोकां कडल्यान तांची इतिहासीक फाटभूंय जाणून घेवंक सांगूं येता आनी मागीर तांकां सांगिल्लें तें उण्यांत उणें दोन भाशांनी बरोवपाक सांगूं येता. थळावो इतिहास उपरांत सगळ्या विद्यार्थ्यां खातीर सांगूं येता.
2. विद्यार्थ्यांक स्मारकां, इतिहासीक नदरेन म्हत्वाच्या इमारतींनी व्हरून इमारतीची वास्तुकला, साहित्य आदी निरिक्षण करूं येता आनी त्या विशिश्ट वाठारांतल्या शब्दसंग्रहाचो वापर करून तांच्या सहपाठ्यां कडेन आनी थळाव्या लोकां कडेन हे विशीं संवाद सादूं येता.
3. विद्यार्थ्यां खातीर भौशीक वाचनालयांक भेट दिवपाची वेवस्था करूं येता आनी तांकां वेगवेगळ्या भारतीय भाशांनी वेगवेगळीं पुस्तकां/दिसाळीं/नेमाळीं/हातबरपां दाखोवं येता. शिक्षकान वेगवेगळ्या संघटनां वरवींय ह्या पुस्तकांची वेवस्था करूं येता.
4. वरिश्ठ विद्यार्थ्यांनी भोंवतणेचें सर्वेक्षण करूं येता. विद्यार्थी सकयल दिल्ल्या निकशांचेर आदारीत म्हायती एकठांय करतले.

- कुटुंबांतले वांगडी उलयतात त्यो भासो.
- फाटल्या 25 वर्सांत शब्दसंग्रहांत जोडिल्लीं नवीं उतरां.

## सप्तक पांचवें

**माझी शाळा**

1. देशभक्ती गीत/प्रार्थना/मुल्याधारीत गीत दुसरे भारतीय भाशेंत तयार करूं येता. शाळेंत सकाळीं जावपी सभेंत गावं/ वाचूं येता.
2. प्रार्थनासभा वेळार विद्यार्थ्यांक दितात त्यो आज्ञा वेगवेगळ्या भारतीय भाशांनी दिवं येतात. कार्यावळी आदीं सराव म्हणून विद्यार्थ्यांक सभेच्या एक दीस पयलीं ह्या आज्ञां विशीं म्हायती दिवं येता.

3. चडशा शाळांनी शाळेच्यो वेगवेगळ्यो सुवातो चड करून एकेच भाशेंत चिन्नीत आसतात. ह्या सुवातांक 2-3 वेगवेगळ्या भासांतल्यो नांवपट्ट्यो लावूं येतात.
4. शाळांतले प्रदर्शन फलक हे संवादाचें एक बळिश्ट माध्यम. ह्या फळ्यां वयली म्हायती प्रदर्शन फळ्याच्या दुसऱ्या अर्दांत दुसरे भारतीय भाशेंत अणकारीत करूं येता.
5. वे◌ंचीक भारतीय भाशेंत तयारी करून दर दिसा सकाळीं हेरांक येवकार दिवपाक सांगूं येता. खंयच्याय संवादांत सुरवातीचो वांटो आसपी कांय वाक्यांय जोडूं येतात.
6. प्रतिज्ञा चड करून शाळा, शालेय क्लब, विद्यार्थी मंडळ, सभा आदी◌ंचो वांटो म्हूण घेतात. ही प्रतिज्ञा वेगवेगळ्या भारतीय भासांनी घेवं येता.
7. शाळेच्या लोगोचेर चड करून शीर्श वळ आसता. ही टॅग-लायन २-३ भारतीय भाशांनीय अणकारीत करूं येता.
8. शाळा विद्यार्थ्यांक नेम आनी अटी, विधीनिशेध हांचे विशीं म्हायती दिता. ती वेगवेगळ्या भारतीय भाशांनी अणकारीत करूं येता. (उण्यांत उणें १-२)
9. सप्तकाचो एक दीस 'स्वाभिमानी भारतीय दीस' म्हणून निश्चीत करूं येता आनी विद्यार्थ्यांक भारतीय परंपरीक भेस घालून येवन त्या भेसा कडेन संबंदीत भाशेंत उलोवपाक सांगूं येता.
10. 'भाशा संगम' हें पुस्तक भोवभाशिकतायेक चालना दिवपी पुस्तक. भुरग्यांक ह्या पुस्तकांतल्यान उण्यांत उणीं पांच वाक्यां शिकपाक सांगूं येतात.
11. विद्यार्थ्यांक वेगवेगळ्या भाशांनी वर्गांत ल्हान/ मोटव्यो घोशणा करपाक प्रोत्साहन दिवं येता. दरेका गटाक स्वतंत्र भास दिवन शिक्षक◌ांनी हे खातीर गट तयार करूं येता.
12. विद्यार्थ्यांक गटांनी वांटून घालूं येता आनी एका विशिश्ट भाशेंतल्या फामाद पुस्तकां विशीं नांवां आनी हेर म्हायती एकठांय करपाक सांग◌ू येता. उपरांत फाटपुरवण म्हूण वेगवेगळ्या भारतीय भाशांनी नामनेच्या पुस्तकांचो कॅटलॉग ते तयार करतले. तांणी साहित्य अकादेमीच्या संकेतथळ◌ाक भेट दिवं येता.
13. माथाळे, कव्हर पेज आनी पुस्तकाचो नियाळ शाळेच्या वाचनालयांत प्रदर्शनांत मांडूं येता.

## सप्तक सवें

### मुल्यां

1. विद्यार्थ्यांक खबर नाशिल्ल्या भासांनी अभिवादनां / येवकार (नमस्ते, शुभ रात्री आदी) शिकपाक प्रोत्साहन दिवंक येता.
2. नागरिक◌ांचे हक्क आनी कर्तव्यां वेगवेगळ्या भाशांनी बरोवं येतात आनी बुलेटीन बोर्डाचेर वा शाळेंतले हेर खंयचेय योग्य सुवातेर प्रदर्शीत करूं येतात.
3. विद्यार्थ्यांक आचारसंहिता, शाळेचे नेम आनी कायदे आनी शाळेंत जावपी वेगवेगळ्या कार्यावळींची दोन वेगवेगळ्या भाशांनी माहिती तयार करपाक सांगूं येता. विद्यार्थी हे नेम पुराय शाळे मुखार वाचतले.
4. विद्यार्थ्यांक वेगवेगळ्या भाशांनी वेगवेगळ्या मुल्यां खातीर (वक्तशीपण, शिस्त, जिद्द, दयाळपण, सहिश्णुताय आदी) उतरां सोदून काडपाक सांगूं येता आनी संवाद रुपांत उलोवंक शिकूं येता.
5. सगळ्या विद्यार्थ्यांक नामनेच्या व्यक्तींचीं मुल्यांचेर आदारिल्ल◌ीं विधान◌ां एकठांय करपाक सांगूं येतात आनी तीं वेगवेगळ्या भाशांनी बरोवपाक सांगूं येतात.

6. मुल्यांचेर आदारिल्ल्यो कथा/ कविता/ लोककथा कथन केल्लीं नाटकां/गितां वेगवेगळ्या भाशांनी विद्यार्थ्यांक दाखोवप आनी गावप.
7. मुल्यांचेर आदारिल्ल्या संहितांचे व्हिडियो वेगळ्या भारतीय भाशांनी कॅप्शन दिवन विद्यार्थ्यांक दाखोवं येतात.

## सप्तक सातवें

**संख्याशास्त्र आनी गणीत**

1. भुरग्यांक तांच्या पाठ्यपुस्तकांतलीं पांच गणितां/प्रस्न तांच्याच उतरांनी बरोवपाक सांगूं येता.
2. वेगवेगळ्या भाशांतले खेळ आनी कुवाडीं.
3. आपले भाशेंत नांवां / क्रमांक दिवप.
4. वेगवेगळ्या भारतीय भाशांनी गणितीय संज्ञा.

## सप्तक आठवें आनी णववें

**प्रतिभा दर्शन**

1. भारतांतल्या चडशा राज्यांनी परंपरीक वेशभुशा आसा. शिक्षक वर्गाक गटांनी विभागतलो आनी दरेका गटाक भारताचें एक राज्य म्हूण नियुक्त करतले. विद्यार्थी त्या राज्याचे परंपरीक वेशभुशेंत शाळेंत येवपाचो यत्न करतले आनी ते त्या राज्यांत चड उलयल्ले भाशेंतल्यान वेशभुशेचें वर्णन करतले.
2. विद्यार्थ्यांक मोल्डिंग माती दितले आनी ते शिक्षकान थारायिल्ले प्रमाण एका विशिश्ट राज्याच्यो परंपरीक वस्ती वा मास्क तयार करतले. विद्यार्थी ह्यो वस्ती आनी मास्कांचें प्रदर्शन करतले आनी ह्या वस्तींची परंपरा, संस्कृताय आनी इतिहास' त्या राज्यांत चड उलयल्ले भाशेंतल्यान सांगतले.
3. विद्यार्थ्यांक कविता बरोवपाक प्रोत्साहन दितले आनी मागीर शाळेन/शिक्षकान वेंचून काडिल्ले प्रमाण 'दिसाचे भाशेंत' अणकार करपाक सांगतले. ग्रंथालयांत उपलब्ध आसल्यार तंत्रगिन्यानाच्या आदारान वा शब्दकोशाच्या आदारान अणकार साधनां वापरपाक प्रोत्साहन दितले.
4. विद्यार्थ्यांक गटांनी विभागतले आनी एका विशिश्ट राज्याचें थळचिन्न / इतिहासीक म्हत्वाची वास्तू / न्हंय / तळें / रानवटी मोनजात अभयारण्य / राष्ट्रीय उद्यान वेंचपाक प्रोत्साहन दितले. ह्या थळचिन्नांचीं चित्रां संकलीत करतले / काडटले / रंगयतले आनी त्या राज्यांत चड उलयल्ले भाशेंत योग्य माथळे दितले.
5. विद्यार्थ्यांक कठपुतळी प्रदर्शना खातीर कठपुतळी तयार करपाक प्रोत्साहन दितले. कठपुतळी सादरीकरणांत दोन तरांच्यो कठपुतळी आसतल्यो, एक विद्यार्थ्यांचे वळखीचे भाशेंत उलयताली आनी दुसरी कठपुतळी शिक्षकान वेंचून काडिल्ले भाशेंत उलयतली. ही कार्यावळ गटांनी करूं येता आनी कठपुतळींचें प्रदर्शन वर्गांत वा प्रार्थनासभोंत करूं येता.

## सप्तक धावें

**म्हजे विचार आनी कल्पना**

1. विद्यार्थ्यांक आपले विचार उकतावंक मेळचे म्हूण शिक्षकांची म्हत्वाची भुमिका आसता. विद्यार्थ्यांक गटांनी विभागतले आनी तांकां ह्या विशयाचेर सादरीकरण तयार करपाक सांगतले- '__________ (शिक्षकान दिल्ल्या राज्याचें नांव) राज्यांत हांवें म्हजो दीस कसो सारलो. विद्यार्थी त्या विशिश्ट राज्यांत उलोवपी भासो वापरून हें सादरीकरण करतले.
2. शिक्षक विद्यार्थ्यांक उण्यांत उणें तीन वेगवेगळ्या भारतीय भाशांनी **'भारतीय भाशा उत्सव'** हीं उतरां बरोवपाक सांगतलो. हीं उतरां बरयतना विद्यार्थ्यांक सुलेखन वापरपाक प्रोत्साहन दिवं येता.
3. भारतांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांनी रावपी इश्टांक भारतीय भाशांनी पत्र बरोवपाक विद्यार्थ्यांक प्रोत्साहन दिवप.
4. विद्यार्थ्यांक गटांनी विभागून रोल प्ले करपाक सांगतले. दरेक गट भारताच्या एका राज्याचें प्रतिनिधित्व करतलो. पंगडाचे वांगडी त्या राज्यांतली इतिहासीक घडणूक / स्मारक वर्णन/ महत्वाची व्यक्ती हांची भुमिका भोवभाशीकतायेचो वापर करून करतले.
5. विद्यार्थ्यांक **'मेरा देश, मेरा गौरव'** ह्या विशयाचेर आपलीं मतां उकतावपाक सांगतले.
6. दरेका वर्ग फळ्याचेर वा प्रदर्शन फळ्याचेर भारताचो बाह्यरेखा नकासो काडटले. विद्यार्थी सुलेखनाचो उपेग करून वेगवेगळ्या भाशांनी शुभेत्सा बरयतले.

## इकरावें सप्तक

**वाचन आनी अभिव्यक्ती**

- भोवभाशी पुस्तकां व्हडल्यान वाचप.
- लिपीं कडेन संवकळ निर्माण करप.
- वेगवेगळ्या भाशांनी ल्हान ल्हान वाक्यां बरोवप.
- कॅप्शन आशिल्ले राष्ट्रीय पुरस्कार फावो जाल्ले सिनेमा पळोवप आनी तांची कथा/कल्पना सांगप.
- अभिजात भाशांची लिपी, आशय हांचे कडेन संवकळ वाडोवप.

## बारावें सप्तक

**श्री. सुब्रमण्यम भारती हांचेर.**

- ताची मूळ कविता आनी अणकार वाचप.
- सुब्रमण्यम भारती कवी आनी तत्वज्ञ हाचे विशीं वाचप आनी बरप.
- सिनेमा आनी डॉक्युमेंटरी प्रदर्शन घडोवन हाडप.
- जाणकारांक आफोवप आनी वेगवेगळ्या भासांतल्यान कार्यावळींची मांडणी करप.
- कवीचे भाशेंत 20 वाक्यां शिकप.